Master WRITING IN KONKANI

STD V

297 Acc. No:
2799 Gen->Dev KAN

002772

MASTER
WRITING IN KONKANI

STANDARD V

2799 Gen → Dev KAN

KONKANI BHASHA ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)

Designed by
KANAK

K, KAN – 2

Publication No : 522

Rs. 10/-

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
A.U. No: 297

A Time Tested Companion of Students and Teachers.

Publishers :
RAJHAUNS VITARAN
1-MEENAKSHI BLDG.,
DR. WOLFANGO DA SILVA MARG,
PANAJI 403 001
PH.: 2220320/2232177
email:rajhauns@sancharnet.in

अनुक्रमणिका

१. निबंद

१. म्हजी शाळा १
२. गांवची जात्रा १
३. पावस २
४. आमचो गांव २
५. सुटयेचो दीस ३
६. म्हजो आवडटो खेळ ३
७. म्हजो आवडटो शिक्षक ४
८. प्लास्टिकाचो सांवार ४
९. गांधीजी ५
१०. कावळो ५
११. झाडांचें म्हत्व ६
१२. चाचा नेहरू ६
१३. चवथ ७
१४. नातलांची परब ७
१५. म्हजी आजी ८
१६. म्हजें घर ८
१७. आमचें बिलू ९
१८. आमचें नमू ९
१९. शणै गोंयबाब १०
२०. गोंयच्या सायबाचें फेस्त १०

2. व्याकरण

१.अ पाठांतलीं उतरां वापरून वाक्यां घडयात ११
२.अ सकयल दिल्ल्या इंग्लीश वाक्यांचो कोंकणींत अणकार करात १२
३.अ सकयल दिल्ल्या कोंकणी वाक्यांचो इग्लीशींत अणकार करात १३
४.अ योग्य क्रम लावन वाक्यां घडयात १४
५.अ स्वताविशीं माहिती १५
६.अ सामान्यज्ञानाचेर आदारीत प्रस्न १६

ISBN 81-7810-321-4

१ निबंद

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
297
K.KAN

१. म्हजी शाळा

गांवांत भितर सरतनाच एक देवूळ आसा. देवळाक तेंकुनूच म्हजी शाळा आसा.म्हजो व्हडलो भाव आनी भयण हेच शाळेंत शिकून व्हड जालीं. म्हजे शाळेंत दोन गुरुजी आनी एक बाई शिकयता. शाळेची इमारत पोरणी. ही शाळा सरकारी खर्चान चलता. पूण भुरग्यांचे पालक शाळेच्या खंयच्याय कामांत सदांच मुखार आसतात. शाळेंत भुरग्यांनी एक बाग तयार केल्या. बागेची कुयदाद भुरगे तशेंच शिक्षक घेतात. सुंदर शाळा नितळ शाळा हे सर्तींत आमकां फाटल्या दोन वर्सांसावन पयलें इनाम मेळ्ळां. आमी शाळा आनी शाळेभोंवतणचो वाठार नितळ दवरला.

२. गांवची जात्रा

दर वर्सा फाल्गून म्हयन्यांत आमच्या गांवांत जात्रा जाता. ही जात्रा दोन दीस चलता. जात्रेक धा बारा दिसां पयलींच गांवांत सामकें खोशेचें वातावरण जाता. आमी शाळेंत वतना येतना, खेळटना नाचतना फकत जात्रेच्योच गजाली करतात. जात्रेक चार दीस आसात म्हणल्यार दर एका घरांतलो दादलो येवन देवळाभायर माटोव घालता. जात्रेक जायते मांड येतात. खाजें, लाडू, चणे, खेळणीं, बोमाडे पिल्लुको जायत्या तरांच्यो गरजेच्यो वस्तू विकूंक येतात. जात्रे दिसा आमगेर जायतीं सोयरीं येतांत. जात्रे निमतान गांवचेच तरणाटे नाटकां करतात. आमी रातभर माटवांत बसून नाटक पळयतात. जात्रेच्या निमतान गांवांत उपाट खोशी जाता.

३. पावस

माया म्हयन्याची गरमी सोंपता आनी केन्ना मीर्ग लागता हें कळच ना. कडक वत आनी उबाळाक लागून जीव सामको खासावीस जाता. अशा वेळार दोळयांत तेल घालून आमी पावसाची वाट पळयतात. आमचीं शेतांभाटां, भाजीपालो आनी फळफळावळ पावसाचेर पोसता. गडगड मारून पावस पडटा तेन्ना म्हाका भंय दिसता. शिरंधारांचो पावस पडलो जाल्यार आमची शाळा बेगीन सुट्टा. रस्त्या कुशीक वालेती उपाट भरून व्हांवतात. आमी केन्नाय कागदाचीं व्हडीं करून सोडटात. पावसा दिसांनी न्हंयो बांयो उपाट भरून व्हांवतात. केन्नाकेन्ना आमचे न्हंयेक हुंवार येता.

४. आमचो गांव

फोंडेंच्यान आमचो गांव लागीं. म्हज्या गांवाचें नाव निरंकाल. आदले मुस्तींत खंय ह्या गांवांत वचूंक पांयवाट आसली आनी येरादारीचीं साधनांय नासलीं. आतां तुमी म्हज्या गांवांत आयल्यार तुमकां बिरेवाचो रस्तो दिसतलो. न्हंयेचेर आतां पूल बांदला. सैमाच्या सोबीत आंगणांत म्हजो गांव सोबून दिसता. वाटेर सगल्याक पाचवेंचार तुमकां गच्च रान मेळटलें. आदल्या काळार खंय रानांतल्यान येतना वाग, रानदुकरां, गवे रेडे बी मेळटाले. आमच्या गांवांत चडशे लोक शेतकामती. आतां हांगा एक मिनाची खण सुरू जाल्या. आमच्या गांवांत मारुतीचें देवूळ आसा. गांवांत भितर सरतनाच तुमकां एक शाळा मेळटली. हांव हेच शाळेंत शिकतां.

५. सुटयेचो दीस

मनीस काम करून बेजार जाता. विद्यार्थ्यांक सदांच शाळेक वचपाक वाज येता आनी केन्ना एकदां सुटी येतली अशें जाता. सुटयेंत मनशाक मानसीक थाकाय मेळटा, परत नव्या जोमान काम करपाची उमेद येता. देखून सुटी गरजेची. म्हाका सुटी पडटा तेन्ना खोस जाता. हांव मागीर सदांपरस उसरां उठ्ठां. च्या आनी नाश्तो उसरां घेतां. दर दिसाचें वेळापत्रक सुटये दिसा बदलता. खेळप, भोंवप, तवनासपणां करप म्हळयार सुटी अशें म्हाका दिसता. पूण म्हजो व्हडलो भाव मात म्हाका सुटये दिसाय अभ्यासाक बसयता; पुस्तकांतले प्रस्न विचारता. म्हजो मागीर मुडूच वता. केन्नाकेन्नाय आमी सुटये दिसा क्रिकेट मॅची दवरतात. मळार हेर भुरग्यांबरोबर भोंवक वतां आनी काण्णां, बोरां, चुन्नां एकठांय करतात. केन्नाकेन्नाय आमी सगले न्हंयेचेर वचून उदकांत खेळटात. म्हाका सुटी खुब्ब आवडटा.

६. म्हजो आवडटो खेळ

म्हजो आवडटो खेळ म्हळयार क्रिकेट. आमच्या वाड्यावयल्या भुरग्यांचो आमी एक पंगड केला. हांव टिमीचो कॅप्टन. हांव म्हज्या वांगड्यां बरोबर नेमान क्रिकेट खेळटां. जायते खेपे आमी आमचे भितर टुर्नामॅण्ट दवरतात आनी मागीर बरीच मजा येता. एका काळार म्हाका क्रिकेट खेळाविशीं कांय एक कळनासलें. टिव्हीवयलो क्रिकेट खेळूय हांव पळयनासलों. पूण जेन्ना हांवें सचीन तेंडुलकाराली बॅटींग पळयली तेन्नाच्यान म्हाका हो खेळ खूब आवडूंक लागलो. ताचेभशेन म्हाका क्रिकेट खेळन दिसता. हांव बॅटींग आनी बोलिंगूय करतां. हांव खेळपाक आसल्यार आमच्या पंगडाक जैत मेळटाच. म्हाका फुडाराक एक बरो क्रिकेट गडो जावपाचें आसा.

७. म्हजो आवडटो शिक्षक

म्हज्या इश्कोलांत सुमार वीस शिक्षक आसात. तातूंत म्हजो आवडटो शिक्षक म्हळयार आमचो पीटी सर. तो सदांच हासत्या मुखाचो. आमच्या वर्गांतल्या सगल्या भुरग्यांक तो सामको आवडटा. तो आमकां केन्नाच मारिना वा तापयना. म्हजो पीटी सर सामको हुशार. तो आमचेकडल्यान जायत्या तरांचे पीटीचे प्रकार करून घेता. ताचो पिरयेड येता तेन्ना भुरगीं सामकीं खोशी जातात. फुटबॉल आनी क्रिकेट खेळांची ताणेंच म्हाका आवड निर्माण केली. केन्नाकेन्ना आमका पिरयेड ऑफ आसतात तेन्ना ताणें आमच्या वर्गांत येवचें अशें म्हाका जाता. खेळा बरोबर पदां नाचगाणीं ताणेंच आमकां शिकयलीं. ते भायर बऱ्यो काणयो आनी नाटकांतले संवाद ताणें आमचे कडल्यान सामके तोंडपाठ करून घेतल्यात. सप्तकांत आमकां चार पीटी पिरयेड आसतात. ताचो पिरयेड आसता त्या दिसा हांव वर्ग चुकयना.

८. प्लास्टिकाचो सांवार

सद्या प्लास्टीकाचें जग म्हणल्यार लटीक जावचें ना. खंयूय वचात, बाजारांत, च्याच्या हॉटॅलांत, नुस्त्याच्या मार्केटांत, वचत थंय आमकां प्लास्टिकाच्योच पिशव्यो दिसतल्यो. प्लास्टीक नाशवंत आसना. तें तशेंच उरता आनी आमचो परीसर घाण करून उडयता. प्लास्टीक लासल्यार वातावरण दुशीत जाता आनी पर्यावरण इबाडटा. देखून आमी ताचो उपेग करूंक जायना. सरकार प्लास्टीक बंदीचो कायदो करता पूण सगल्योच गजाली कायद्यान सुटाव्यो जायनात. देखून आमीच ताचेर बंदी हाडूंक जाय. बाजारांत पसरकाराकडेन वस्तू कागदांत बांदच्यो म्हणून हट्ट धरूंक जाय. दूद पोतयां बदला बाटल्यांतल्यान दिवपाचो आग्रो धरूंक जाय. देखून आमी नागरिकांनी जागृत रावन आमच्या दीसपट्ट्या जिवितांत प्लास्टिकाचो मातूय उपेग करूंक जायना.

९. गांधीजी

आमच्या देशांत जे व्हड व्हड फुडारी जावन गेले तातूंत महात्मा गांधीक सगल्यांपरस वयलें स्थान आसा. तांचो जल्म २ ओतुब्राक जालो. तांच्या बापायचें नांव करमंचद आसलें आनी आवयचें पुतलीबाय. मोहनदास करमचंद गांधीक ल्हानपणांतल्यानूच असत्याचो खर राग आसलो. एकदां परिक्षा चलतना ताका एक इंग्लीश उतर कळना जालें. मास्तरान ताका फुडल्या भुरग्याचें पळोवन बरय अशें सांगलें पूण ताणें तशें केलें ना. मुखार भारत स्वतंत्रतायेच्या लड्यांत तांणी ह्याच शस्त्राचो उपेग केलो. अहिंसा, सत्याग्रह आनी स्वतंत्रताय मेळोवंक रक्तपात जावंक जायना ह्या विचाराचे ते आसले. ब्रिटीश जायते खेपे तांकां बंदखणींत घालताले. दांडी यात्रा, मिठाचो सत्याग्रह, खादीचो प्रचार हींच तांचीं मुखेल शस्त्रां आसलीं. आनी खरेपणीं सत्याच्या बळग्यार तांणी ब्रिटीशांक हांगाच्यान धांवडायले. आमी तांचे देशभक्तीक अभिवादन करूया. आमचो बापूजी सदांकाळ अमरूच उरतलो.

१०. कावळो

सगल्या सुकण्यांभितर कावळो मनशाचे चड सवंकळीचो. पूण गांवगिऱ्या वाठारांत ताचो चड राबितो आसता. ताची नदर सामकी धारेची. कावळ्याभशेन कितें पळयता रे, अशें म्हणटात तें हेच पसत. ताचो रंग काळो आनी ताचे चोंचीक बरीच तांक आसता खंय. कावळो सामको शिटूक. गोफणीक, तुबकाच्या फाराक तो केन्नाच सांपडना. ताका जेन्ना धोक्याची जाणविकाय जाता तेन्ना तो सादूर जाता. आनी आपल्या वांगड्यांकूय सादूर करता. ताचो ताळो खरखरीत. तो गायता तेन्ना सामको कर्कश आवाज जाता. कावळो आमचो एक अर्थान इश्ट! कित्याक जाणा? घाण आनी हळशीक तशेंच कुसकें खावन तो पर्यावरण नितळ दवरता. म्हाका कावळो आवडटा.

११. झाडांचें म्हत्व

आदल्या काळार रूशीमुनी रानांत वचून तपश्चर्या करताले. वर्सांसंकिनी ते झाडांच्या सावळेतळा यज्ञयाग करताले. रामान चवदा वर्सां एक शिराप म्हणून वनवास भोगलो. तशें पळोवंक गेल्यार झाडांचें आनी मनशाचें एक अतूट अशें नातें आसा. झाडां आमकां लांकूडबडी दितात. फुलां फळां दितात. शितळ सावळी दितात. ताच्याकूय व्हड म्हळ्यार पर्यावरणाचो समतोल झाडूच सांबाळटा. मनशाक जेवणा खाणाबगर गरजेन लागता तो प्राणवाय. झाडां हो प्राणवायू निर्माण करतात. सैमाची सोब झाडांबगर आनीक कोणूच राखूंक शकचो ना. देखून आमी रानां सांबाळूंक जाय. झाडांचेर हावळ म्हणल्यार मनीस जिविताचेर हावळ.

१२. चाचा नेहरू

चाचा नेहरूचें खरें नांव जवाहरलाल नेहरू. पूण तांकां पंडीत नेहरू ह्या नांवान लोक वळखताले. अलाहाबादेक एका गिरेस्त घराब्यांत तांचो जल्म जालो. स्वतंत्र भारताचे पयले प्रधानमंत्री जावपाचो मान तांकां फावो जालो. जवाहरलाल नेहरूंचें चडशें शिकप परदेशांत जालें. नेहरूंक ल्हान भुरग्यांचो खुबूच मोग आसलो. तांणी रशियेच्या भुरग्यांक खंय हती दिल्लो अशें म्हणटात. आमी १४ नोव्हेंब्र हो दीस बालदीस म्हणून मनयतात. तांचो वाडदीस हो भुरग्यां खातीर ओंपिल्लो दीस. फकत भारत देशांतूच न्हय जाल्यार अख्ख्या संवसारांत पंडीत जवाहरलालजीक एक खाशेलें स्थान आसा. तांचे कारकिर्दींत स्वतंत्र भारतान जायते बरे कार्यक्रम आंखले. पंचवर्सुकी येवजण हो तांचेच बुदवंतकायेचो एक भाग. तांणी केल्लो त्याग आमी भारतभूंयचे लोक केन्नाच विसरचे नात.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No :002799

१३. चवथ

हिंदू धर्माभितर गोंयांत आनी महाराष्ट्रांत चवथीचे परबेक जायतें म्हत्व आसा. श्रावण म्हयनो सोंपून भाद्रपदांत चवथीचो सण मनयतात. किरिस्तांव समाज जशी नातलांची परब व्हड खोशेन मनयतात तशीच हिंदू लोक चवथीची परब मनयतात. चवथी दिसा सकाळीं गणपतीची मुर्ती हाडून पुजेक लायतात. गणपतीक शेंदूर, दुरवा आनी हेर फुलां आवडटात. त्या दिसा घरान घर गोडशें करता. नेवऱ्यो हो तातूंतलो एक खाशेलो पदार्थ. गणपतीक मोदक आवडटात खंय. चवथीच्या दुसऱ्या दिसा म्हणल्यार पंचमी दिसा गणपतीचें विसर्जन करतात. चवथी निमतान भायल्या गांवांनी आशिल्ले घरचे लोक एकठांय येतात. सणा निमतान एकामेकांगेर वचप जाता आनी हाका लागून मोग आनी आपलेपण तशेंच खोशी आनी उमेद वाडपाक आदार जाता.

१४. नातलांची परब

चवथ जशी हिंदू लोकांची परब तशीच नातलां किरिस्तांव भावांली एक भोव उमेदीची परब. नातलां जावं क्रिसमस ही परब गोंयांत मोट्या दबाज्यान मनयतात. देझेंब्राचे २५ तारखेर नातलांचें फेस्त येता. ह्या दिसाचें म्हत्व म्हळयार ह्या पवित्र दिसा क्रिस्ताचो जल्म जाल्लो. क्रिस्ताचो जल्म गोरवांच्या गोठ्यांत जालो देखून त्या दिसा किरिस्तांव भाव आपल्या घरामुखार आंगणांत जावं वासरेर गोठो तयार करतात. २४ तारखेक मध्यानेर व्हड मीस जाता. मीस जाले उपरांत लोक एकामेकाक नातलाचे परबेच्यो शुभेत्सा दितात. हालींसरा गांवागांवांनी हे परबे निमतान नाच, पदां, तियात्र बी अशे मनरिजवणेचे कार्यक्रम जातात. सिरवीस वा हेर वेवसायां निमतान भायर आशिल्ले किरिस्तांव भाव नातलांच्या फेस्ताक घरा येतात. चवथ जावं नातलां, दिवाळी जावं ईद - अशा धर्मीक सुवाळयांनी मनशाक जी मानसीक थाकाय मेळटा ती खरेलीच गरजेची!

१५. म्हजी आजी

म्हाका एक आजी आसा. सगलीं तिका व्हडली आई म्हणटात. म्हज्या बाबाक ती नांवान उलो मारता. म्हाका ती बाय म्हणटा. ती म्हाका बऱ्योऽऽ काणयो सांगता. हांव चड करून तिचेच म्हऱ्यांत न्हिदूक वतां. व्हडले आईची पिराय कितली ती कोणाक खबर ना. ती आपलो वाडदीस केला मनयना; हांव तिचीं फकाणां करतां तेन्ना ती हांसता. व्हडले आईची तकली सदांच हालता तें पळोवंक मजा दिसता. घरांत व्हडले आईक खूब मान आसा. बाबा लेगीत ती सांगता तें आयकता. ती म्हज्या बाबापरस कितली व्हडली आसतली काय ?

१६. म्हजें घर

म्हजें घर ल्हान आसा. तें चड करून म्हज्या आज्यान बांदिल्लें आसतलें. घर बरेंच पोरणें पूण आमी तें बरें सांबाळून दवरलां. आताचीं चडशीं घरां शिमीट कॉंक्रिटाचीं पूण आमच्या घराक नळे आसात. चडशो वणटी मातयेच्यो. दर वर्सा बाबा मानांय लावन पावसापयलीं नळे शिंवून घेता. वावझडीन वणटी भिजतात देखून बाबा घराक चुडटांचो झड बांदून घेता. घरामुखार बरें आंगण आसा. आंगणांत तुळस आसा. आईन घराफाटल्यान एक ल्हानशेंच पोरसूं केलां. पोरसांत पावसा दिसांनी भाजी रोयतात. उबाळाच्या दिसांनी आंगणांत माटोव घालतात.

१७. आमचें बिलू

आमगेर एक बिलू आसा. धवेंफुल्ल. बिटबिट्या दोळयांचें. ताच्या आंगार मदीं मदीं काळे पटे आसात. ताचे दोळे बारीक. म्हजी आई नुस्तें उजरायता तेन्ना तें तिचे फाटल्यान फुडल्यान भोंवता. शिवराक जेवण ताका मात लेगीत आवडना. नुस्त्याबगर तें शिताक आफडिना. म्हाका एक धाकली भयण आसा. लालू ताजें नांव. तें ताका मांडयेर घेता. लालू आनी बिलू बेस बरीं खेळटात. बिलू शेड्ड्याक, जल्ल्याक पळोवन शेंपडी वयर काडटा आनी गुरगुरता. केन्ना फाटीक बाग घालून तें गुरगुरता. आई मागीर ताचेर धेंकणो घालता. आमचें बिलू म्हाका खूब आवडटा.

१८. आमचें नमू

आमगेर एक गाय आसा. आईन तिका नमू अशें नांव दवरलां. नमूचो रंग शिबरो. बाबा तिका मदीं मदीं चरोवंक व्हरता. नमूक एक ल्हान पाडूक आसा. बाबा पाडकाक पडवेर बांदता. आंगणांतल्या माटवांत नमूक बांदतात. गायक पळोवन नमू मोटमोट्यान हांबेता. दूद काडपाच्या वेळार बाबा पाडकाक सोडटा तेन्ना तें धांवत गाये म्हऱ्यांत वता. पाडूक लुचतना मजाच जाता. कुशीक काडल्यार तें कशेंच हालना. बाबा मागीर ताका उखलून भितर व्हरता. नमू पाड्काक आपल्या म्हऱ्यांतल्यान व्हरूंक दिना. ती मोट्यामोट्यान हांबेता.

१९. शणै गोंयबाब

शणै गोयबाब हो कोंकणीचो म्हापुरूस. ह्या वर्सा गोंयांत अस्मिताय महोत्सव मनयतात तो शणै गोंयबाबाच्या उगडासाकूच. शणै गोंयबाबाचें खरें नांव वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकार. ल्हानपणासावन ते स्वाभिमानी आनी आपले भाशेचे मोगी आसले. ज्या काळार कोंकणी भाशेक आनी साहित्याक कोंबरी-आंकरी येवंक नासली त्या काळार शणै गोंयबाबान कोंकणी बरपावळीची बुन्याद घाली. आयचे कोंकणी भाशेक राजभाशेचो जो मान मेळ्ळा तो तांच्याच मोलादीक ववराक लागून. कोंकणी साहित्यांतले सगले प्रकार तांणी हाताळिल्ले. निबंद, नाटक, कथा, काणयो हे साहित्य प्रकार तांणी रचले. आदले मुस्तींतलीं तांचीं नाटकां अजुनूय गांवागांवांनी तितलेच उमेदीन जातात. हांतूल्यानूच तांचे बरपावळीची तांक समजता.

२०. गोंयच्या सायबाचें फेस्त

दर वर्सा तीन देझेंब्राक गोंयचें फेस्त जाता. सांव फ्रांसीस शावियेराक सगले भावीक गोंयचो सायब म्हणून वळखतात. फेस्तापयलीं णव दीस नोवेनां म्हळयार मिसां सुरू जातात. गोंय सायबाच्या फेस्ताक गोंय सरकारान सुटी दवरल्या. गोंयचे तशेच हेर वाठारांतले जायते भावीक लोक गोंयांत फेस्ताक येतात. तातूंत क्रिरिस्तांवूच न्हय जाल्यार हिंदू, मुसलमान तशेंच हेरूय धर्मांतले लोक वांटो घेतात. फेस्ता निमतान गोंयांच न्हय जाल्यार सबंद गोंयभर एक उमेदीचें ल्हार पातळटा. तरातरांचे मांड ह्या वाठाराक एक सोबाच कशी हाडटात. गोंयांत हिंदू आनी किरिस्तांव समाजांचो धर्मीक घराबो ह्या उत्सवांत दिश्टी पडटा.

२ व्याकरण

१. अ. पाठांतलीं उतरां वापरून वाक्यां घडयात.

देखीक :

मळब, काकुळट, गीम, उपकार, पुजा, घोंस, येवकार, अजाप, गर्दी, अदमास, नितळ, उदरगत, आवड, खोस, सेवा.

१. राती वेळार मळबांत सोबीत नखेत्रां दिसतात.

२. गिमांत आमी झाडां शिंपतात.

३. म्हाका भिकाऱ्याची काकुळट दिसली.

४. आमी उपकार करतल्याक विसरूंक फावोना.

५. आई सदांच देवांची पुजा करता.

६. झाडाचेर बिंबलांचे घोंस लांबताले.

७. शाळेंत मुखेल सोयऱ्याक येवकार केलो.

८. जादवाचो प्रयोग पळोवन आमकां अजाप दिसलें.

९. जात्रेक व्हड गर्दी जाल्ली.

१०. म्हजे भयणीक सुण्याचो अदमास आयलो.

११. नितळ रावल्यार पिडा जावंक पावना.

१२. भारत देशान जायती उदरगत केल्या.

१३. म्हाका नाचाची आवड आसा.

१४. नवें पॅन पळोवन राजूक खोस जाली.

१५. श्रावण नेमान आवय बापायची सेवा करतालो.

आ. <u>सकयल दिलीं उतरां वापरून आनीक वाक्यां घडयात</u> :

गिरेस्त, विसव, आदार, घट, आंगण, इत्सा, न्याय, गर्दी, लाव, भेट.

२. अ. <u>सकयल दिल्ल्या इंग्लीश वाक्यांचो कोंकणींत अणकार करात</u> :

1. His mother loved him.
   ताचे आवयचो ताचेर जीव आशिल्लो.
2. Hema and Seema are sisters.
   हेमा आनी सीमा दोगीय भयणी.
3. Ramu is a wealthy man.
   रामू गिरेस्त मनीस.
4. Everybody likes cricket.
   क्रिकेट सगल्यांक आवडटा.
5. We must rise early.
   आमी सदांच बेगीन उठूंक जाय.
6. Please don't be angry.
   उपकार करून रागार जावं नाका.
7. We have a cow.
   आमगेर गाय आसा.
8. We keep our school clean.
   आमी आमचें इश्कोल नितळ दवरतात.
9. India is my country.
   भारत म्हजो देश.
10. I was not well yesterday.
    काल हांव बरो नासलों.

आ. सकयल दिल्ल्या आनीक इंग्लेज वाक्यांचो कोंकणींत अणकार करातः

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No : 002799

1. I like the PT period.
2. I live at Sacordem.
3. All of us must plant trees.
4. Where is your English note-book ?
5. Once a fox found a piece of bone.

३. अ. सकयल दिल्ल्या कोंकणी वाक्यांचो इग्लीशींत अणकार करात :

१. आमी सदांच खरें उलोवंक जाय.
We must always speak the truth.

२. झाडां आमकां प्राणवाय दितात.
Trees gives us oxygen.

३. म्हाका चित्रकलेची आवड आसा.
I like the art of drawing.

४. तूं उदकाची नाशाडी कशी करूंक शकता ?
How can you waste water?

५. काल तिचो आजो भायर पडलो.
She lost her grandfather yesterday.

६. आमी पयशिले भोंवडेर गेल्लीं.
We went on a long tour.

७. सीता जायती तकालस घेता.
Seeta works hard.

८. भारताचो पंगड बरो खेळ्ळो.
India played well.

९. बाळू आमचो शेजारी.
Balu is our neighbour.

१०. रस्त्यावयल्यान चलतना जतनाय घे.
Take care while walking on the road.

आ. सकयल दिल्ल्या आनीक कोंकणी वाक्यांचो इग्लेजींत अणकार करात :

१. तूं खंय वता ?

२. झाडांपेडां आमचे खरेले इश्ट.

३. भोलो शेतांतलें काम करता.

४. हांवें कालची मॅच पळोवंक नासली.

५. आमी भारताचे नागरीक.

४.अ. योग्य क्रम लावन वाक्यां घडयातः

देखीक : आसा एक मेजार पुस्तक
मेजार एक पुस्तक आसा.

१. दिसताले दोंगर पयशिल्यान सोबीत
पयशिल्यान दोंगर सोबीत दिसताले.

२. कोलो उदकाचे पडलो बांयंत निळया.
कोलो निळया उदकाचे बांयंत पडलो.

३. येवं हांव सर वर्गांत ?
सर, हांव वर्गांत येवं ?

४. सुटी शाळेक काल आसली.
काल शाळेक सुटी आसली.

५. हाड तुका पयशे जाय तें घे आनी
पयशे घे आनी तुका जाय तें हाड.

६. केली पिकनिकेक मज्जा आमी.
पिकनिकेक आमी मज्जा केली.

७. देशाचे नागरीक ह्या आमी
आमी ह्या देशाचे नागरीक.

८. आसलो बंद काल बाजार.
काल बाजार बंद आसलो.

९. जाय जायतें मावशी म्हजी दिता म्हाका.
म्हजी मावशी म्हाका जाय जायतें दिता.

आ. योग्य क्रम लावन अशींच वाक्यां घडयातः

१. आतां घरा हांव वतां
२. फावोना मनशान बेकार रावंक
३. विचारता आळशाक कोण ?
४. आसता भायर भाव म्हजो.
५. मनयतात परब चवथीची आमी.

५.अ. विद्यार्थ्याक आपलेविशीं थोडी तरी माहिती सांगूंक येवंक जाय.

देखीक : राजू आपलेविशीं थोड्याच उतरांनी माहिती बरयता.

म्हजें नाव राजू रमेश नायक.

म्हजी पिराय इकरा वर्सां.

हांव पांचवे यत्तेंत शिकतां.

हांव घर न. १७, सिल्वानगर, फोंडें ह्या नाम्यार रावतां.

म्हजे आवयचें नांव रमिता रमेश नायक.

म्हाका एक भाव आनी एक भयण आसा.

म्हज्या भावाचें नांव मंजुनाथ.

म्हजे भयणीचें नांव शुभांगी.

म्हजो भाव सातवे यत्तेंत शिकता.

म्हजी भयण सवे यत्तेंत शिकता.

म्हजो बाबा आनी आई आमका बरीं करतात.

आमी सगलीं आनंदान रावतात.

आ. राजूचो भाव मंजुनाथ आनी भयण शुभांगी आपलेविशीं माहिती कशीं सांगतलीं तें थोड्याच उतरांनी बरयात.

६.अ. पाठ्यपुस्तकांतल्या प्रस्नांबरोबरूच भुरग्यांक कांय सामान्यज्ञानाचेर आदारीत प्रस्न आनी तांच्यो जापो बरोवपाक येवंक जाय.

सकयल कांय सवण्यांचीं नांवां दिल्यांत

कावळो	कीर
पाखो	मोर
साळोरी	धुगूम
पिटकोळी	

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

आ. तुमकां येतात त्या फुलांचीं, फळांचीं, भाजयांचीं, झाडांचीं नांवां बरयात.

इ. म्हयन्यांचीं, वारांचीं, दिसाच्या नांवांच्यो वळेऱ्यो तयार करात.

ई. रंग, रुची (गोड बी), खाणां (लाडू बी) हांचीय वळेरी तयार करात.

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on
	2799 Gen-7 Dev KAM	

K

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: Master Writing In Konkani STD VI

YEAR: —

AUTHOR: Kanak

PLACE OF PUBLICATION: Rajhauns Vitaran Panaji

PRICE: 15/-

ACC. NO. 297

CONSTANT

SANGATI

ON THE ROAD TO SUCCESS

A MUST FOR EVERY STUDENT

A time tested companion of students and teachers

Publisher :
RAJHAUNS VITARAN

1 - Meenakshi Building,
Dr. Wolfango da Silva Marg,
Panaji - Goa 403 001
Ph.: (0832) 2220320, 2232177
E-mail: rajhauns@goatelecom.com